# राज्यात नमुनो सर्वेक्षणाक सुरवात

ता. 17 फेब्रुवारी 2020

नियोजन, सांख्यिकी आनी मुल्यांकन संचालनालयान राष्ट्रीय नमुनो सर्वेक्षणाच्या 78 च्या फेरयेचो भाग म्हुण जानेवारी 2020 सावन राज्यात देशी पर्यटन खर्च आनी बहुदर्शंक नमुनो सर्वेक्षणाक सुरवात केल्या. अशें नमुनो सर्वेक्षण घराघरांतल्यान डिसेंबर 2020 मेरेन चलतले. संचालनालयाचे प्रशिक्षित अधिकारी घराघरांत भेट दिवन सर्वेक्षण करतले.

हे सर्वेक्षण केंद्र सरकाराच्या सांख्यिकी आनी कार्यक्रम अंमलबजावणी मंत्रालयाच्या ईएसडी, सीएसओ, एनएसएसओ च्या मार्गदर्शना प्रमाण करतात. ह्या सर्वेक्षणातल्यान देशी पर्यटन खर्चासयत कुटुंबांसंबंदी कांय विशेश म्हायती, पर्यटन काळातलो राबीतो आनी बहुदर्शंक सर्वेक्षणातल्यान घर खरेदी/बांदकाम, स्थलांतर, अन्न असुरक्षीतता, पिवपाचे उदक, नितळसाण, शिक्षण, म्हायती संपर्क तंत्रज्ञान अशी म्हायती एकटाय करतले. ही सर्वेक्षण मोहिम यशस्वी करपा खातीर लोकांनी सहकार्य करपाची मागणी केल्या. सर्वेक्षणातल्यान एकटाय केल्ली म्हायती गुपीत दवरतले आनी फकत सांख्यिकी कारणाखातीर वापरतले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/142

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA